चिटकुल्या चिंकीचें विशाल विश्व

राजश्री बांदोडकार कारापुरकार

चिटकुल्या चिंकीचें विशाल विश्व

राजश्री बांदोडकार कारापुरकार

लर्निंग स्फियर्स
मडगांव-गोंय

Chitkulya Chinkichye Vishaal Vishwa
'Tiny Chinki's Enlightened World'
Rajshree Bandodkar Karapurkar

प्रकाशन क्रमांक 6

© राजश्री बांदोडकार कारापुरकार

पयली उजवडावणी : 2015

छापणावळ : इंप्रेशन प्रिंटर्स, बेळगांव

प्रकाशक : लर्निंग स्फियर्स
टी-३, मुकुंद अपार्टमेंट, विद्याभुवना मुखार,
कोंब, मडगांव, गोंय 403601
फोन क्रमांक : 0832-2732810, 9822122705

ISBN - 978-81-909944-3-11

Rs. 225/-

Email : rajshreebandodkar@yahoo.com

निसर्गातल्या बाबड्या जिवांक...

– राजश्री

उपकारी भावनेन...

हांव व्हड उपकारांत...
सैमाच्या, सैमांतल्या अजापांच्या...
म्हज्या सगळ्या घरच्यांच्या... खास करून म्हाका
सदांच उर्बा दिवपी म्हजी भयण नीला आनी म्हज्यो
धुवो ध्वनी आनी भुमी हांच्या. म्हजो बरोवप
पुस्तकाच्या रुपांत हाडपाक प्रोत्साहन दिवपी
श्री पुंडलीक नायक, गोवा कोंकणी अकादेमी तशेंच
म्हजे बरोवप सुदारपी बाय विनंती कांसार कळंगुटकार,
बाय सुशमा सोनक तशेंच बाय डॉ जयंती नायक
हांचेय हांव सदांच उपकारी आसतलें. म्हजी मोगाची
भयण नीला हिणें उतरान उतर वाचून पानांची
रचना खुबूच बरे तरेन आंखल्या.
ताचे हांव व्हड उपकारी आसा. भितरलीं कांय
चित्रां वासू वात्सवन हाणें बरेतरेन काडल्यांत.
तशेंच बाय अन्वेषान टायपिंग करपाक मजत केल्या.
छापणावळीचे काम इंप्रेशन प्रिंटर्स, बेळगांव हाणीं
बरेंतरेंन केलां. हांचें सगळ्यांचे तशेंच प्रत्यक्ष
आनी अप्रत्यक्ष रितीन म्हाका सदांच आदार
करतल्यांचे हांव भोव उपकारी.

– राजश्री बांदोडकार कारापुरकार

चिंकी... बरोवचे आदीं...

चिंकी... बरयता आसतना...

एका सरळ साद्या मार्गान स्वता कश्ट करून शिस्तिन फुडें वतल्या ह्या भूयेवेल्या जिवांक कितले त्रास भोगचे पडटात हे मूंय आमकां दाखोवन दिता. फटिंगपणा करनासतनां, दुसऱ्यांचें वायट चिंतनासतना, दुसऱ्यांक त्रास दियनासतना आपली जीण बरेतरेन फुडें व्हरप हें एक व्हडलें तप. हांव तें जियोपाचो यत्न करता आनी दर खिणांक ह्या खडतर मार्गार येवपी आडमेळी, खिणांखिणांक त्यो आडमेळी हाडपी लोक आनी तांच्या विळख्यांतल्यान भायर सरून आपणें थारायल्ल्या मार्गान फुडें वचप हें हांव अणभवता.

म्हजे बशेन ह्या सृश्टींतले आनीकूय बाबडे जीव अशेतरेची जीण अणभवता आसतलेच. पूण ते ओग्गी रावून सोंसतात, भियेतात, फाटीं सरतात. आनी कांय वर्सांनी तांचें अस्तित्व सोंपता. आडमेळींतल्यान मार्ग सोदप आनी आपली जीण सुदारप हें व्हडले आव्हान, तें आमी आपणावपाक जाय आनी मरसर कश्ट करून जग सुदारपाचें काम करपाक जाय.

ह्या म्हज्या अणभवांतल्यान हें म्हजें पुस्तक 'चिंकी...' जल्माक आयलां. पुस्तकाचें निमणें पान बरयता आसतना, त्या पानांर कांय वेळ एक काळी मूंय पासयो मारताली.

हांव तिका कांय खीण पळयतूच उरलें. हेंच कांय चिंकी?

मांडावळ

१. अपुरबायेचेंच चिंकी	१
२. चिंकी आनी पावस	४
३. चिंकी उदकांत निसरलें	७
४. चिंकी अंदू पावस पळयतले	१०
५. पावसाची सुरवात	१२
६. गडगडो, जोगलावणेचें गुपीत फुटले	१५
७. मळबांत उदक तयार कशें जाता?	२१
८. मळबांतलीं कुपां	२७
९. चिंकी आनी मम्माचो संवाद	३६
१०. चिंकीचें लक्ष दिसाळ्याचेर	४०
११. पावसाचीं कुपां	४१
१२. कापोत घालून चिंकी पावसांत	४४

१३. भुयेंवेलें चिंकी मळबांत भोंवडेक गेलें ४६
१४. चिंकी आनी बकेश्वर ५०
१५. बक्याचें तत्वज्ञान ५२
१६. चिंकी आनी बकेश्वर कुपांभितर ५७
१७. बकेश्वर जालो ईश्वर ६२
१८. चिंकीक जाग येता ६६
१९. चिंकी आतां व्हडलें जाता ६७
२०. चिंकीक मेळ्ळें लॉलीपॉप ६९
२१. चिंकीच्या जिविताचो व्हडलो पांवडो ७१
२२. तरांतरांच्या मुयांच्यो विंगड विंगड रिती ७४
२३. मूंय आनी सैम ८२
२४. चिंकीचें उडाण ९६

All Ant Illustrations :
Vasu Vasavan
Visual Concepts, Page layouts & Creatives :
Neela Bandodkar,
Earth2Sky Design Studio.

अपुरबायेंचेंच चिंकी

एक आसली धाकटुली मूय. मोगाळ, चुणचूणीत आनी एकदम हुशार. ताचें नांव चिंकी. तें सगळ्यांचेच अपुरबायेचें. सगळीं जाणां ताचें तोखणाय करी. आवयचो तर ताचेर भोव मोग. चिंकी गुणी, शिटूक जावचें अशें सदांच तिका दिसतालें. पूण तिणें मनांत मात थारायल्लें, हांव म्हजे चलयेची फाजील अपुरबाय करचें ना.

ताका पेड्ङ्चार जावपाक
दिवचे ना. हांव ताका शिस्तीन
वाडयतलें. चिंकीक गोड
खावपाक खूब आवडटालें.
हांगचो थंयचो गोड गोड भोभो
एकठांय करून, आवय ताका
लायताली. आनी मटक मटक
करून रूचीन ते खाण
चघळयताले. जशे दीस
सरपाक लागले तशें चिंकी
ल्हानाचें व्हड जावपाक
लागले. चिंकीचे खेळान
नाचान दीस धावताले.



आता गीम सोंपपाक पाविल्लो. मुयांक पावसाचो हुसको जाल्लो. अश्याच एका दिसा, आमोरेर मम्मा हुसक्या हुसक्यान भायर बशिल्ली. इतल्यांत चिंकी सदचे भशेन थंय नाचत आयलें. मम्माच्या तकलेर आटयो पळोवन चिंकीन म्हळें,

मम्मा, कसली इतली चिंतना तुका?

ल्हवूच मम्मान चिंकीक मोगान आपले वेंगेत ओडले आनी म्हळें,

चिंकी आनी पावस

पावस म्हळ्यार कितें काय? पावस हें उतर चिंकीन इतले दीस आयकूंक नासलें. ताका अजाप जालें.

मम्मा, पावस म्हळ्यार कितें गे?

आरेच्चा, चिंकी तर हालींच जल्माक आयला. हें लक्षांत येतकर मम्मान म्हळें,

चिंकी, पावस म्हळ्यार मळबांतल्या कुपांतल्यान जमनीर पडपी उदकाच्यो सरी!

चिंकी (अजापान): ''आगे मम्मा,
मळबांत उदक भरिल्लें आसता तर?''
आता मम्माच्या तोंडार हांसो फुल्लो.
आपल्या पोराच्या बाबडेपणाची
आवयक व्हडवीक दिसली.
ताका सोंपेपणांन समजावपाचो यत्न
करपाचे थारावन मम्मान म्हळें,
''चिंकी, चल आमी मात्शीं भायर या.
प्रत्यक्षान दोळ्यांनी पळोवन अणभव
घेवया. सोप्या उतरांनी समजूया.''
चिंकी आवय वांगडा मोन्यांनी
भायर गेलें. ''आता वयर पळय.''
मम्मान म्हळें, ''हाका कितें म्हणटात?''
चिंकीन वेळ वगडायनासतना जाप
दिली. ''मळब''.



“ व्हेरी गुड चिंकी”, मम्मान म्हळें.
“ हें मळब आनी मळबांत भोंवतल्या कुपांतल्यान जेन्ना उदक सकल पडटा, ताका पावस म्हणटात.”
चिंकी : “आँ, आँ. आता कळले म्हाका. पूण कूपां मळबांत भोंवतात तर?”
मम्मा, “हय! वाऱ्यासांगाताक कुपां भोंवतात, धोलतात, हालतात. ”
“ आवयस्स मज्जाच आसतली न्हय.” चिंकीन उमेदीन म्हळें.
चिंकीची उमेद पळोवन मम्मा फुल्ली.



चिंकी उदकांत निसरलें

चिंकी अंदू पावस पळयतलें...

चिंकी : पूण मम्मा,
म्हाका पावसांत भायर वचपाकूच
जाय. चिंकीन आपले टूणटूणें
चालूच दवरले. ह्या हट्टी पोराक
समजायतले कशे?
(कांय खिणांनी) मम्मा : बरें बाये,
व्हरता तुका भायर पावसांत पूण
घसाघसा पडता तेन्ना न्हय,
पावस पिरी पिरी पडटा तेन्ना.
चिंकीक उमेद जाली.
नाचत नाचत तें वाडोभर
लोकांक सांगत सुटलें,

"हांव अंदू वर्सा पावस पळयतलें. हांव अंदू वर्सा पावस पळयतलें."
कुकुल्या बांयचे हें उमेदीन नाचप, खिदळप पळोवन वाड्यावयल्या मुयांक ताची खुबूच अपुरबाय दिसली खरी पूण तितलोच पुरूमेताचो तांकां हुस्को जालो. पावसाची गोड सपनां रंगयत, खेळत नाचत चिंकीचे दीस पासार जावपाक लागले.

पावसाची सुरवात

पावसाचे दीस सुरू जाले. घोग्यांनी पावस, मदीं मदीं मळबांत झगझग, उजवाड आनी ताचें सांगाताक मोटो गडगड. ह्या गोंदळांत कितें चल्ला ते चिंकीक कळनासलें. चिंकी : मम्मा, हो उजवाड, गडगड कसलो? भंय दिसता म्हाका.

मम्मा : आगो बाय, गीम सोपत आयला. गीम सोंपच्या वेळार, सुरवेक मोठ्ठ्या उटंगाराच्या पावसा वांगडा मळबांत जोगलावणी, गडगड आसताच. हे आयकून चिंकी ल्हवूच भंयान आवयचे कुशींत केले.

"म्हणजे हो आवाज आयज येत रावतलो तर?" त्याच वेळार मळबांत वीज झगझगली. त्या भगभगीत उजवाडांत चिंकीचे दोळे आपूणूच काय खिणांक बंद जाले.



गडगडो, जोगलावणेचें गुपीत फुटलें...





"मम्मा, मळबांत हो इतलो कसो उजवाड?" चिंकीन ताकतिकेन मम्माक प्रस्न केलो. "आगो, मोट्या उटंगाराच्या पावसावांगडा जो मळबांत पयली झगझग दिसता ताका वीज म्हणतात आनी ताच्या सांगाताक कांय खिणांनी आवाज आयकूंक येता ताका गडगड म्हणतात."(ही उतरां भायर सरचें आदींच परतूय व्हडलो गडगड तांच्या कानार पडटा)

मम्मा : चिंकी, आतांच तुवें
जोगलावण्या उपरांत रोकडोच
गडगड आयकलो मगो?
(चिंकी याद करता)
आतांच जोगलावण्या उपरांत ताका
रोखडोच गडगडूय आयकूंक आयिल्लो
तर खरो. आता मात ताची उमळशीक
तेंगशेर पावली. ताका सगळें
जाणा जावन घेवपाचे आशिल्लें.
पूण एके वटेन ताका चुरचुरीत
भुकूय लागिल्ली. चिंकीची भूक
मम्माच्या लक्षांत आयली.
कांय धेपां मुखार, एक साखरी
कण पडिल्लो तिका दिसलो.

तिणें चिंकीक तो दाखयलो. चिंकीचे तोंडातल्यान लाळ व्हांवली. (उदक सुटलें) आता मात वेळ वगडायनासतना आवयन तो गोड गोड भोभो चिंकीक हाडून दिलो. ताणें तो बेगीबेगीन मटा मटा करून खांवन उडयलो.

आता चिंकीन आवयक ल्हवूच याद केली,

मम्माक याद जाली. आपणे सांगिल्लें तर खरें. चिंकीक पावस दाखोवपाक व्हरपाकूच जाय. सैमातलें हें अप्रुप, अजाप ताका अणभवपाक दिवपाकूच जाय. दोन दिसां भितर चिंकी खातीर सत्री आनी कापोत तयार करपाचें थारावन, तिणें चिंकीक म्हळें,

चिंकी, सद्या पावस
घोग्यांनी पडत आसा.
ताचो सावार मातसो
कमी जावंक दी. पिरी
पिरी पडटल्या
पावसांत हांव तुका
पासयेक व्हरता.
आमी कापोत घालून,
सत्री घेवन फिरूंक या.
पावसांत मज्जा करूया.



मम्माची हीं उतरां
आयकून चिंकी
धादोस्स जाले.
ताचें मन पावसाचीं
सपनां रंगयत उरलें.
मनांतले मनांत
दीस मेजीत रावलें.

मळबांत उदक तयार कशें जाता?

दोन–तीन दिसां उपरांत आयज चिंकी खुबूच उमेदीन आसलें. मम्मान भायर व्हरपाचें उतर दिल्लें न्हय ताका? पूण पावसाविशीं कांय प्रस्न तर ताचे मनांत घर करून बसल्यात. ताच्यो जापो सोदून काडल्या बगर ताका सुसेग ना. परतूनूय आपले आवय फाटल्यान तें आपल्या प्रस्नांची व्हळेरी घेवन तयार जाले.



म्हज्या अपुरबायेच्या चलयेचे कितले भांगराळे प्रस्न हें? म्हजे काम फाटी दवरून हांच्यो जापो ताकां दिवपाक जाय. ताची हिवूय भूक भागोवंक जाय.



मम्मा : बरें चिंकी, हांव तुका आयज मळबांत उदक कशें तयार जाता तें थोड्या उतरांनी सांगपाचो यत्न करता.

चिंकीन मान हालयली.

मम्मान आपलें उलोवणें फुडें व्हेलें.





मम्मा : सुर्याचे गरमेंत हे उदक
दर दिसा इल्ल्या इल्ल्या
प्रमाणांत आटता,
ताचे वाफेंत रुपांतर जाता.
ही वाफ वाऱ्यांसांगाताक
वयर वयर वचत रावता.



चिंकी : पूण... पूण मागीर मळबांत उदक येता खंयच्यान?

मम्मा : थार धर. सांगता गो बाये. उदकाची वाफ वाऱ्यावेल्या कणां सांगाताक मळबांत वयर वयर वता.

हे कळले तूका?

चिंकी : हय!



मम्मा : पृथ्वीवेल्यान वयर वता तेन्ना मळबांत थंडसाण वाडिल्ली आसता.

ह्या परिस्थितीत कितें जातले?



चिंकीक जाप दिवपाक सुचना.

मम्मा : आयकय. वाऱ्याकणांसांगाताक मळबांत वचपी वाफ हे थंडसाणेन कणांचेरूच गोठेता आनी अशेतरेन उदकाचो थेंब जाता.

(चिंकी आयकत उरता)

मळबांतलीं कुपां



मम्मा : (आपले उलोवणें फुडें व्हरत)
अशेरितीन तयार जाल्ले बारीक
बारीक थेंब एकीकडेन येतात.
वाऱ्याच्या थराचेर उफेतात.
हांकाच आमी कुपां म्हणटात.



मम्मा : विसरले गो बाय? काय दिसांपयलीं सांगिल्ले मगो तुका हाचेविशीं. त्याचवेळार चिंकीचे तकलेंत लख्ख उजवाड पडटा. चिंकी : मळबाच्या कुपांतल्यान पडपीं उदकाच्यो सरी म्हळ्यार पावस.

मम्मा : गुणाचेंच म्हजें तें. एकदाच सांगिल्ले घट्ट मतींत धरता ते. (मम्माच्या तोंडातली तोखणाय भांगराळी)

चिंकी खूश जाता आनी
मम्मा आपलें उलोवणें
फुडें व्हरता.

मम्मा : पूण ह्या
कुपांतल्यान
पावसांसरी कश्यो
पडटात हे समजूपाचे
ना व्हय तुका?
चिंकी मान हालयता.

ताका तर हे सगले समजून
घेवपाकूच जाय. मागीरूच
पावसांत वचपाक खरी
मजा येतली.



मम्मा : सांगता तुका. हे बारीक बारीक थेंब एकठांय येवन तयार जाल्ली कुपां वयर वचत आसतात. आनीकूय वयर, थंड हवेत ती पावतात. फुडे फुडे जसो जसो ह्या तयार जाल्ल्या थेंबांचो आकार वाडटा, तशी कुपां जड जातात. कुपांचो आकार वाडटा, कुपांतली जडसाण वाडटा आनी ह्या जडसाणे खातीर कुपां सकयल पावतात. एकमेकांचेर आदळून थंयच्च्यान उदकांचे थेंब भुंयेर पडटात. हाकांच आमी पावस पडलो अशें म्हणटात.

मम्मा : आगो, थोडें उदक जमनीन जिरता तर थोडें उदक पाणट्यांक वा न्हयांक वचून मेळटा. जें फूडें वचून मागीर दर्याक मेळटा. हेंच उदक सुर्याचे गरमेन वाफ जावन परतूय वयर वता, ताची कुपां तयार जातात आनी अशेतरेन कांय तेंपान परतूय पावस पडपाक लागता. हें चक्र चालूच उरता.

चिंकी : मम्मा, मळबांतल्या सगळ्याच कुपांतल्यान पावस पडटा?

मम्मा : ना. सगळ्याच कुपांतल्यान
न्हय. आयकय. त्या मानान
पृथ्वीलागसार गरम वारें.
जशीं जशीं पृथ्वीवेल्यान वयर
वयर वतात तशी तशी थंडसाण
वाडत वता. आतां, कुपां जशी
वयर वतां, तशी कांय कुपांचो
भाग सकल्या गरम वाऱ्याक
मेळटा आनी ताची वाफ
जाता. तर कांय कुपां
वाऱ्या सांगाताक
आनीकूय वयर पावतात.

चिंकी : आवयस्स!
मज्जाच आसतली न्हय?

मम्मा : आयक गो बाये,
सगले आयकून घे.
शिता आदींच मीठ खावं नाका.

चिंकी (तोंड अळणी करून): बरें... फुडें सांग.
थंडसाणीन पावतकर कितें जाता तर?

मम्मा : थंय जर चड थंडसाण आसली जाल्यार
कुपांतल्या थेंबांचो झेल तयार जाता आनी भुंयेंर
करे वा झेल पडलो म्हणटात तर कांय
कुपांतल्यान ते उदकाचे थेंब
जमनीर पडटात. हाकाच आमी
पावस पडलो म्हणटात.
चिंकी : मम्मा, आयज म्हाका
पावस म्हळ्यार कितें ते कळ्ळें गे!

उलयता उलयता कितलो वेळ
गेलो कळ्ळेंच ना. मम्माक आता
घरा भितरलीं कामां याद जालीं.
तिणें चिंकीक म्हळें, "चिंकी आता
मात्सो सुशेग घे. वेळ मेळटकर
सांजवेळार उलोवया".

अशें म्हणून मम्मा आपलें काम सोपोवपाक घरांत गेली.

चिंकी हेवटेन तेवटेन उडक्यो मारीत, विचार करीत रावलें.
केन्ना काय व्हरतली मम्मा आपल्याक भायर उदकांत?
कितली मज्जा येतली न्हय? उडक्यो मारतां मारतां ताका
पयसुल्ल्यान एक दिसाळ्याचें पान पडिल्लें दिसलें.
ताचेर काय चित्रां पितारिल्लीं आशिल्लीं.
चिंकीन बारीकसाणीन पळयलें.



चिंकी आनी मम्माचो संवाद

आता चित्रांतल्या
कुपांक तें वळखलें.
ताका याद जाली,
भायर भोंवडेक
वतना मम्मा
खुबदां ताका
मळबांत पळय
म्हणटाली.
भोंवतात ती
धवीं कुपां ताका
दाखयताली
आनी सांगताली,

बाय मळबाकडेन पळय. सवणीं उडटात. ताचेय वयर पळयल्यार वाऱ्यावांगडा धोलपी धवीं कुपां. पळय, पळय. आपले मस्तेन, आपले तंद्रेंत, ती कुपां मळबांत भोंवतात. केन्ना केन्नाय तर तीं येद्या व्हडल्या सुर्याक पसून लिपयतात.

चिंकी, आपलें मन मळबांइतलें व्हडलें करपाक जाय, आपल्या विचारांक, मळबांत उडपाक शिकोवपाक जाय. आमचे जशे विचार तशींच आमी घडटलीं.

मम्माचें हें उलोवणें खुबदा चिंकीक समजनासलें पूण
आयकुपाक मात ताका खुबूच आवडटालें.

म्हजी मम्मा
दुसऱ्या मुयांपरस
कितली वेगळी?
तिचे विचार फकत
जेवण खाण,
कपडे लत्ते हाचेरुच
निंबून ना.

म्हणूनच तर चिंकीक मम्मा वांगडा भोंवडेक
वचपाक खूब आवडटालें. चिंकीक आपल्या
मम्माविशीं आनीकय मोग दिसलो.

चिंकी ह्या विचारांनी आसतनाच मम्मा
आपलें काम सोंपोवन थंय पावली.

चिंकीचें लक्ष दिसाळ्याचेर

पळयत जाल्यार चिंकी आपलेच तंद्रेंत
पूण ताची नदर मात त्या
वर्तमानपत्रावेल्या
चित्राचेर.

"चिंकी...!" मम्मान
अपुरबायेन चिंकीक उलो मारलो.
मम्माचो गोड आवाज आयकून
चिंकी भानार आयलें.
आगो चिंकी, मळबाच्याच चित्राक पळयता मगो तर तूं? - मम्मा.
"हय मम्मा! मळब आनी धवी कुपां."
ह्या चित्रांतल्यान आपल्याक थोडें तरी
शिकोवपाक मेळटलें हे चिंतून मम्मान म्हळें,

पावसाचीं कुपां

मम्मा : चिंकी पावसाचीं कुपां गोबऱ्या रंगाची आसतात. त्या कुपांचो आवाठूय बरोच व्हडलो.



मम्मा : आगो, उदकाचेच ल्हान ल्हान थेंब भरिल्ले आसतात. पूण तांचें प्रमाण मात चड.

चिंकी : मागीर ती काळी वा गोबऱ्या रंगाची कित्याक तर?

मम्मा : आगो, ह्या गच्च भरिल्ल्या थेंबाखातीर सुर्याचो उजवाड पसून लिपता, आमचेमेरेन तो पावना. म्हणून ती आमकां गोबऱ्या वा काळ्या रंगाची दिसतात. पावस पडचे वेळार मळबांत हीं कुपां दिसतात.

आनी मागीर दमट
म्हळ्यार कितें तर?- चिंकी



चिंकीक आयज बरेंच ज्ञान मेळिल्लें.

जमनीवेल्या उदकाची वाफ जावप, वयर वता वता थंडसाणीखातीर त्या वाफेचे थेंब जावप, फुडे हे थेंब एकठांय येवन तरांतरांची कुपां तयार जावप, आनी ह्याच कांय कुपांतल्यान परतूनय पावसांरुपांन हेच उदक जमनीर पडप. मज्जाच न्हय? चिंकीची उमेद पळोवन आवय खूश जाली. ल्हवूच मम्मान चिंकीचो हात धरलो आनी अपूरबायेन तिणें चिंकीक म्हळें,



तोखणायेचीं उतरां आयकून चिंकी उमेदी जालें. तेच उमेदीन ताणें म्हळें,''चल मम्मा, आता गडगड आनी पावसय थांबला. म्हाका भोंवपाक व्हर.''

कापोत
घालून
चिंकी
पावसात

आवयन ताका पयल्या पावसांत भिजून थंडी जायत म्हण आपणें
शिवून तयार केल्ली कापोत घाली आनी सत्री उगडून दोगाय जाणां पावसांत भिजिल्ल्या रस्त्यार फिरपाक गेलीं. मज्जा करून तिनसाना घरा येतकर, चिंकीक आवयचे उबेंत केन्ना दोळो लागलो हें कळ्ळेंच ना.

भुयेंवेलें चिंकी... मळबांत भोंवडेक गेलें...

त्या दिसा चिंकीक एक सपन पडलें. सपनांत हांगां थंय धांवतात तीं मळबातलीं कुपां आयलीं. तातुंतलें एक व्हडलें कूप चिंकीकडेन उलोवपाक लागलें. कुपान मायेन चिंकीक म्हळें,




चिंकी आयज तुजी उमळशीक
पळोवन म्हाका खूब बरें दिसलां.
माग, तुका जायतें माग,
आयज तुका म्हजेकडल्यान
तूं मागता तें मेळटल.
कांय खीण
विचार करून चिंकीन
कुपाक म्हळें
कुपा म्हाका उडपाक
जाय. मळबाची भोंवडी
करपाक जाय.
कुपान चिंकीक पळोवन
म्हूण दोळे मिटमिटायले
आनी त्याच खिणाक
चिंकीचें उडप सुरू जालें.

ताका पांखां आयली,
ताची गती वाडली आनी वयर
उडटा उडटा ताचें वजन वाडपाक लागलें.
निमणेकडेन ताचें वजन एका सुकण्या
इतलें जालें. ''अहाहा! कितली मजा येता,
कितलें सोबीत दिसता हें जग!''

आयजमेरेन चिंकीन पळयल्ली फकत जमीन, वणत वा मेज
आनी पयसुल्ल्यान चलतात ते मनीस. आनी केन्ना केन्नाय
मम्मा दाखयता तें मळब आनी तातूंत उडपी सुकणीं.
धर्तरी आनी धर्तरिवेली अप्रुप सासाय ताणें केन्नाच
पळोवंक नाशिल्ली. जशे जशे ते वयर वचपाक लागले
तशे तशे ताचो उडपाचो घोरस्त वाडलो.

चिंकी आनी बकेश्वर

हांगा थंय मेकळें भोंवतना, पयसुल्ल्यान
आपलेवटेन येतना ताका एक सवणें दिसलें.
चिंकी खूश जालें. आयज आपणांक नवी
इश्ट वा इश्टीण मेळटली हें चिंतून
ताणेंय आपलें तोंड सवण्याचेच दिकेन केलें.
लागीं पावतकर सवण्यान ल्हवूच चिंकीचेर
लक्ष मारलें आनी तें अजापान पळयत उरलें.
निमणे चिंकीनूच उलोवपाक सुरवात केली.

"आगो, मुयेक उडटना तर हांवें केन्नाच
पळयलें ना म्हण म्हाका अजाप जालां.
म्हजें नांव बकेश्वर. हांव एक बको.
उदकाचे तळावेल्यान उडून, झोंपय मारून,
नुस्तें खावन म्हजो जीव सांबाळपी एक सवणें".
"मागीर तूं इतलो वयर कसो
पावलो तर?" चिंकीचो प्रस्न.

बक्याचें तत्वज्ञान

चिंकी, तूं जशें वयर
आयलां, त्याच नेटान
हांवूय वयर पावला,
उडपाचो आनंद भोगता.
बाकीच्या बक्यांक
उमेद ना. तांकां
दिसता की तांचे
जिवीत म्हळ्यार
फकत उडून,
तळ्यांतले नुस्तें
खावन मजा करप.

चिंकी बकेश्वराक पळयत उरलें. म्हजी आनी हाची सपनां एकूच.
हें चिंतून चिंकीक बरें दिसलें. म्हाका वांगडी आसा तर. हांव एकलेंच ना.

इतल्यांत...

बकेश्वर : चल चिंकी, ही पळय कुपां.

तुका कुपांविशीं जाणा जावन घेवपाक जाय न्हय?

चिंकीक अजाप जालें. ताणें चप् करून बकेश्वरा कडेन पळयलें. "आरेच्च्या! म्हज्या मनांतले हाका कशें कळ्ळें काय?" आता बकेश्वर फकत हांसलो.



हय, बरोबर तुजें. (चिंकीन अजापान म्हळें.)
म्हाका त्या दिसा मम्मान, पावस दाखोवपाक
भायर व्हेल्लें. मळब दाखयल्लें. कुपांविशीय सांगिल्ले.
पूण म्हाका मळबाविशीं आनीकूय खूब जाणून
घेवपाचे आसलें. म्हजे हे उमळशिकेखातीर आयज
कुपान म्हाका ही शक्त दिल्या. म्हाका मळबांत
उडपाची तांक दिल्या. (चिंकीन फुडें सांगलें.)

हय, म्हाका खबर आसा सगळें.
धर्तरिवेलो एक माणकुलोच जीव
हांगा उडत पावतलो हेंवूय म्हाका
खबर आसलें. फकत कोण आनी
केन्ना हें समजूंक नासले.
तें सोडून दी पूण तूज्या मनांतले
प्रस्न अजुनय सुटिल्ले नात हें
म्हाका समजलां. चल, आता कुपांकडेन
पावल्याच, भितर फावट मारून
येवया, जाता तितलें समजून घेवया.



चिंकी आनी बकेश्वर कुपांभितर



चिंकी : आमकां धर्तरिसावन,
हीं कुपां म्हळ्यार मळबांतली
गादी शी दिसता न्हय?
बकेश्वर हांसलो आनी दोगांय जाणा
एकामेकांचे हात धरून कुपांभितर गेलीं.
चिंकी (अजापान) : आरे, हांगा तर
उदकाचे ल्हान ल्हान खूब थेंब भरिल्ले
आसा. हींच पावसाची कुपां आसतलीं!
बरोबर वळखलें तुवें, सांगता तें तुज्या
लक्षांत उरता तर मगो? – बकेश्वर.



आनी उदकाची
वाफ धुल्लाच्या
कणांचेर गोंठ्तकच उदकाचो
थेंब तयार जाता हें मम्मान
म्हाका सांगिल्लें खरें.
पूण हें घडटा कशें हाचें
प्रात्यक्षीक म्हाका आयज
पळोवपाक मेळटलें.– चिंकी.
बरोबर तुजें. आयज सारकें पळय.
ह्या येद्या व्हडल्या कुपाचो थोडो
वयलो भाग मळबांतल्या थंड
जाग्यार पाविल्लो आसा. – बकेश्वर.



म्हणजे त्या
भागांतले उदकाचे
थेंब थंडेन कुडकुडटा
आसतले न्हय?

चिंकीचो फकांणा करपाचो
मोख पळोवन, बकेश्वरूय
ताची री ओडटा.

चिंकी, चडशेच स्वेटर
घेवन आयलो मगो तूं?
कुडकूडटा त्या थेंबांक
घालूंक?.

चिंकी
हांसता.

चल चिंकी, आता
सारकें समजून घेवया.
त्या थंडसाणेच्या
जाग्यार पाविल्ल्या
कुपाच्या भागांत
सारकें पळय.
कितें दिसता तूकां?

(चिंकी बारकायेन
पळयता.)
आरेच्च्या! उदकाच्या
थेंबाचो पळय
कसो झेल जाता
तो बकेश्वर!

बकेश्वर जालो ईश्वर...



बरें आसूं, चिंकी, पळय.
वयल्या भागांत थंडसाण चड
आशिल्ल्या कारणान एकदम
सोपेंरितीन उदकाचों झेल
जाता तो – बकेश्वर.
चिंकीक घेवन बकेश्वर ल्हवू ल्हवू
वयर वता. आंगांत कुडकूडो भरसर
चिंकी झेलाची थंडसाण अणभवता.
बकेश्वर चिंकीक घेवन फुडें वचत आसा.



आगो चिंकी, पळय,
कितलें वारें घोळटा पळय
हांगा. कुपांत वयर सकयल
वारें घोळतूच आसा पळय.

ईश्वर पळय! कुपांत
सकयल्या भागांतले गरम
वारें पळय कशें वयर वता
तें. आँ! आता कळ्ळें वयर
थंडसाण, म्हणून ते गरम वारें
थंड जाता तर!! थंडसाणेन
ताचे उदक जाता. सकयल्या
भागांत येता आनी थंय
आयिल्लें गरम वारें परतूय
वयर वता. आँ! आयज
म्हाका सारकें समजलें.

चिंकीचे कान बकेश्वराच्या
उलोवण्या कडेन आसा.
तर दोळे, कुपांभितर कितें
घडटा हाचो थाव घेता.

चिंकी आयज खूश आसा. ताणें
खूब गिन्यान मेळयलां.
ईश्वर आनी ताची खूब इश्टागत
जमल्या. दोगांचेय विचार जुळटात.
विचार चालू आसतनाच...

म्हणूनूच तुका कुपांनी
शक्त दिवन हांगा हाडला.
सगळें दिसतलें तुका.
सगलें समजतलें तुका.

चिंकी उठ मगो बाय, आयज
कितलें न्हिदला गो तूं? काल
पावसांत फिरून चड पूरो
जालां दिसता तुका.

चिंकीक जाग येता

मम्माचो आवाज आयकून चिंकीक जाग येता. दोळ्यामुखार मम्माक पळोवन तें खूश जाता. बकेश्वराची ताका याद येता. आपल्या सपनांतल्या मळबाचे अणभव ते शब्दांनी बरें रंगयता. मम्मा हांसता, मनांत खूश जाता आनी तांच्या दिसपट्ट्या वावराची सुरवात जाता.

चिंकी आता व्हडलें जाता...



कांय तेंपान...
पावस वचून गीम आयलो.
गिमाउपरांत परतय पावस
येवपाचो आसा. आता दीस वचपाक
लागले तशें चिंकी वाडपाक लागलें.
ताका कश्टाची जाण जावपाखातीर अंदू
वर्सा आपल्या वांगडा चिंकीक कामाक
व्हरतलें अशें मम्मान थारायलें.

बोला फुलाक गाठ तशी दुसऱ्याच दिसा मुयांची बसका
थारली. राणीमुयेन वाड्यावेल्या सगळ्या मुयांक आपोवन
तांची बसका घेतली. बसकेचो मुखेल विशय आसलो :
'पावसाखातीर खाणांचो पुरूमेत'. आयज
मात मम्मान चिंकीकूय बसकेक हाडिल्लें.
राणी मुयेंन, अपुरबायेच्च्या
चिंकीक एक लॉलीपॉप
खावपाक दिलें.

चिंकीक मेळ्ळें लॉलीपॉप

लॉलीपॉप चोखीत चोखीत, चिंकी बसलें. कांय वेळांत बसकाय सोंपली. बसका सोंपतकर राणी मुयेन ल्हवूच ताच्या पोल्याक हात लायलो आनी म्हळें,



चिंकी मुमूरकेंच हांसलें.

ताका नवीन शिकूंक मेळटलें म्हण तें खूश आसलें.
घरा वतना ताणें ल्हवूच मम्माक विचारलें,

आगे मम्मा,
म्हाका लॉलीपॉप
दिवपी काकी
कोण? आनी
तीच सगळ्यांक
कितें सांगताली?''

आगो ती राणी मूंय. तिका
व्हडली माँ म्हण. तिचो
हुकूम आमी मानतात.
आता तूं व्हडलें जाता न्ही?
कळटलें तुका ल्हवू ल्हवू.

उलयता उलयता,
चिंकी आनी मम्मा
रोखडीच घरा पावलीं.
नवो जागो पळोवपाक
मेळटलो ह्या उमेदीन
ते थोड्याच वेळांत
न्हिदपाक गेले.

चिंकीच्या
जिविताचो
व्हडलो
पांवडो...

थारिल्ले प्रमाण दुसऱ्या दिसा,
चिंकी सक्काळी उठलें. न्हावन धुवन
तयार जावन तें मम्मा वांगडा वचपाक
तयार जालें. इतले दीस तें ल्हान
म्हूण मम्मान ताचेर व्हडलिशी
जापसालदारकी घालूंक नासली.
पूण आयज मात तें आपल्या
जिविताचो व्हडलो पांवडो
उखलपाक तयार जाल्लें.

मम्मा मनांतल्यान खूश
आसली. आपल्या इल्लेशा
चिंकीक जबाबदारीची
जाण येवपाक लागिल्ली.

आपलें काम सोंपोवन
मम्मा भायर आयली.

अशें म्हणून चिंकीक घेवन मम्मा भायर आयली.

"चिंकी, आयज हांव तुका सांगता तें आयक. बरें समजून घे" – मम्मा.



मम्मा : जें आयजमेरेन तुका केन्नाच खबर नाशिल्लें ते.

मम्मान आपल्या उलोवण्याक सुरवात केली.

तरांतरांच्या मुयांच्यो विंगड विंगड रिती...



मम्मा : आगो प्रत्येकाचो वेगळो सभाव. वागपाची तरा वेगळी. थोड्यांचें खाशेलपण म्हळ्यार धान्य पुंजावन वेगळें करून दवरप. तातुंतल्यो काय मुयो हें धान्य कल्लावन, नितळ करून पावसाखातीर पुरूमेंत करून दवरतात.

चिंकी : आनी हें साठयल्लें धान्य चुकून उदकांत भिजलें जाल्यार?

मम्मा : हें धान्य ओलें जाल्यार त्यो मुयो त्या भिजिल्ल्या धान्याक आपल्या घराच्या दाराभायर दवरतात.

चिंकी : आवयस्स! इतली मस्ती!

मम्मा : हो जालो कांय मुयांचो सभाव. फुडें आयक. कांय मुयांक आवांताद रावपाची सवंय. ती स्वत कसलेंच काम करिनात. तांचें स्वतचें काम करपाक तांणी दुसरे जातीच्यो मुयो दवरिल्ल्यो आसतात.

कसलेंय काम म्हळ्यार?– चिंकी
कसलेंय काम म्हळ्यार मालकाचें
घर बांदप, घरांत नितळसाण दवरप,
तांच्या ल्हान भुरग्यांक वाडवप,
तांचे खातीर जेवण हाडप,
तांका भरवप आनी बाकी सगळें
घरांतलें काम करप.– मम्मा.
चिंकी : आवयरस्स! लज मगे!

मम्मा : खबर आसा बाय म्हाका.
पूण संवसारांतल्यो रिती समजून घे.
फुडें आयकय.

(मम्मा आपलें उलोवणें फुडें व्हरता.)

ह्या सुशेगाद जिविताची तांकां
खुबच सवंय जाल्या. कोणूच
आपणाक भरोवपाक ना
जाल्यार मुखार आशिल्लें
जेवण पसून ती खावची नात.

आवयस्स! आळशीपणाची
तेंगशीच! आपले काम
आपणाकूच करपाक कळना
जाल्यार कसली ही जीण?

मम्मा : (विशय बदलपाचो यत्न करता)
बरें, हें जालें कांय विचीत्र सभावाच्या मुयांचें वागप.
चिंकी फुडें आयक.
आता आमच्यो रिती समजून घे.
आमचे भितरल्यो कांय मुयो फकत
जेवण खाण सोदपाचें काम करतात.





चिंकी (अजापान) : जेवण सोदचें पडटा? मेळना कांय रोखडेंच तांकां?

मम्मा : आगो चिंकी, दिसता तशें नासता, म्हण जग फसता. जेवण खाण सोदपाक त्रास घेवचेच पडटात. आनी काम करतना आमी तटायच करून मरुंकूय शकतात.

चिंकी : मरूंक शकतात? कशें तर?

मम्मा: मनशांनी चिड्डून मारले जाल्यार वा दुसऱ्या जनावरांचो चुकून पाय पडलो जाल्यार.

आता चिंकीचे तोंड बावता.

"तोंड कित्याक बावले म्हज्या पिटसुल्याचे?" मम्मा अपूरबायेन विचारता.

मूंय आनी सैम

चिंकी : पूण आमकां मनीस कित्याक मारतलो? पृथ्वीवेली कांय प्रमाणांत थंडसाण सांबाळपाक आमी मुयोय मजत करतात न्हय?

मम्मा (अजापान): वा! कशें कळ्ळें तुका हें?

(आता चिंकी हांसता)



मम्मा : बरोबर तुजें. हवेंतलो कार्बन डायऑक्साईड कमी जावप म्हळ्यार मनशाक फायद्याचेंच.
चिंकी (नेणारपणान): तरी पूण मनीस आमकां चिड्डून मारता कित्याक तर? मम्मा (हांसत) :



चिंकी : कित्याक?

मम्मा : आगो, तांका त्रास दिता आसतले प्राणी.

चिंकी : आमी कसलो त्रास दितात तांकां?

मम्मा : आमीं कांय मुयों तांकां चाबता आसूंयें. तांकांय दुखता आसतलेच न्हय? बरें. ते सोडून दी. आनीक एक लक्षांत घे.

चिंकी : कितें?

मम्मा : कांय मनशां तळ्यांतल्या वा न्हंयेतल्या उदकांत न्हातात.

चिंकी : मागीर कितें जाले?



चिंकी : आवयरस्स!


फुडें आयकय. आपणेच तयार केल्ल्या फॅक्टरींतली रासायनीक घाण, मनीस ल्हवूच न्हंयेंत सोडटा. हे तांचे करणेन आमच्या सारकेल्ले बारकेले जीव मरतात. सवण्यांक, जनावरांक त्रास जातात.
चिंकी : आरेरे! मागीर ह्या मनश्यांक बुद्द कोण शिकयतलो?
मम्मा : सैम.
चिंकी : सैम? कसो?
मम्मा : मनशान आपणा पुरतेंचें सूख दिवपी उपकरणां तयार केल्यात.
उपकरणां? कसलीं?

मम्मा : गाडी, रेफ्रिजिरेटर, एअर कंडिशनर, आनीकूय खूब कितें जे तांच्या जिवाक खिणाचें सूख दिता.
पूण हातूंतल्यान तीं बुद्द कशी शिकतात?


आगो, ह्या उपकरणांतल्यान भायर सरपी विखारी वायू वाऱ्यांत भरसता. वयर वतकर ताचें थेंब्यांनी रुपांतर जाता. ह्या विखारी रसायनांच्या पावसाक acid rain म्हणटात.
(आता चिंकी आँ करून आयकत उरलां)



मम्मा (उलोवणें फुडें व्हरत):

हो पावस भुंयेर पडटकर, फकत आमचे असले ल्हान प्राणीच न्हय, तर झाडां, नुस्तीं तशेंच सगळ्यांत मुखेल म्हळ्यार मनशाचीय भलायकी पिड्ड्यार जाता. म्हणून मागीर चड प्रमाणांत मनशां दुयेंत पडटात. पूण कोण समजायतलो तांकां?

(चिंकी विचारांत घुसपता.
ताणें आयज मेरेन मनशांक
व्हडलेशें पळयल्लें ना,
तांकां समजिल्ले ना.) इतल्यांत,

मम्मा : चिंकी, तुका
ल्हानपणांतल्यान हांव
सांबाळीत आयलां. भायलें
जग तुका तितलेशें
दाखोवंक ना. आता
तूं व्हडलें जालां. ल्हवू ल्हवू
तुका सगळें कळटलें.

चिंकी : बरें तें सोडून दी.
फुडें सांग मम्मा.

मम्मा : जेवणाच्या सोदांत कांय मुंयो हांगा थंय फिरतात. आता तांचे वाटेर जर तांकां खंयूय साकरेचो कण वा कसलोय गोड पदार्थ मेळ्ळो जाल्यार...
चिंकी : जाल्यार तीं ते खाण उखलून घरा व्हरतलीं.



चिंकी : पूण कित्याक?
सगळ्यांक कित्याक कळोवपाचें?
मम्मा : आगो, तें खाण आमचेपरस
कितलें व्हडलें आसता खबर
आसा मगो तुका?
चिंकी : हय पूण हांवें हाचेर इतलो
विचार करूंक नासलो. आयतें
मेळटा न्ही म्हाका खाण?
(हांसता)

मम्मा: हय गो बाये. पूण ल्हवू ल्हवू
कामाक लागतकर कळटलें तुका.

बरें, मम्मा म्हाका एक सांग
पळोवया. अमूक कडेन खाण
आसा ही गजाल दुसऱ्या
मुयांमेरेन कशी पावयतात
ह्यो मुंयो?

आगो खाणाकडल्यान परत आपले वस्तीन वतना ह्यो मुयो जमनीर आपलें पोट चिड्डितात. थंयच्च्यान वासाचें कॅमिकल (रसायन) भायर सरता.

चिंकी : मागीर?
(आता चिंकीची उमळशीक वाडल्या)
मम्मा : आगो, ही वासाच्या रसायनाची रेग ओडीत त्यो मुयो आपले वस्तींत पावतात.
चिंकी : मागीर?

मम्मा : मागीर तें खाण हाडपाक,
बाकी सगळ्यो मुयों एके रांकेंत तो वास
सुंगत सुंगत त्या खाणाकडेन पावतात.

चिंकी : आवयस्स! बरें मगे हें!

उलयता उलयता
मम्मा आनी चिंकीक
केन्ना नव्या जाग्यार
पावली तें कळ्ळेंच ना.

आयज चिंकी खूब
नवें शिकिल्लें. तरातरांच्या
सभावाच्यो मुयों ताणें
जाणा जावन घेतिल्ल्यो.



चिंकीचें उडाण...

पूण ताचें मन आयज धांवतालें.

दुसरेंच कडेन धांवतालें.

विचारांनी तकलेंत थैमान घाल्लें.



हे सदचे
जिणेंपासून म्हाका
फुडें वचपाक जाय.
म्हाका म्हजे विचार
फुडें व्हरपाक जाय.

म्हाका म्हजे विश्व
ह्या विशाल सैमा
भाशेन विशाल
करपाक जाय!!!

हे सगले विचार तकलेंत
येना फुडें आयज एकदम
चिंकीचें विश्व बदल्लें. ताका
मेकळीक मेळिल्ल्याची
जाण आयली. आपल्या
विचारांत जर बदल
हाडलो जाल्यार जीण
बदलूंक शकता हाचो
अणभव ताका आयज
आयिल्लो. आनी ताचें
विशाळ उडाण
परतुनय सुरू जालें.
... नव्या विश्वाचें!

राजश्री
बांदोडकार
कारापुरकार

शिक्षण : एम. एस्सी (भौतीक शास्त्र)
भौतिक शास्त्राची (फिजिक्स) शिक्षिका
•इंडियन असोसिएशन ऑफ फिजिक्स टिचर्स (IAPT) गोंय विभागाचे कार्यकारी समितीचे वांगडी
•असोसिएशन ऑफ फ्रेंडस् ऑफ ॲस्ट्रोनोमी (AFA) गोंयचे आजीव वांगडी.

साहित्यीक वावर :
भुरग्यां तशेंच सामान्य मनशांखातीर कोंकणी आनी हेर प्रादेशीक भासांतल्यान, सोप्या उतरांनी विज्ञान, सैम आनी अध्यात्मीक स्वरुपाचे लिखाण केलां.

आयज मेरेन आयिल्ली पुस्तकां :
•विज्ञानयोगी
•सैमाकडेन संवाद
•मळबाकडेन संवाद
•Space Talks
•तान्यांच्या वनांत स्वप्नांची सहल

चित्रपट : •निसर्गाचेर कोंकणी ॲनिमेशन चित्रपट 'सैमाकडेन संवाद' हाची निर्मिती, •गोवा राज्य सरकार पुरस्कृत इंग्लिश शॉर्ट ॲनिमेशन फिल्म 'Bondla Zoo' आनी 'Mosquito Control! I can do it' हाचे लेखन, दिग्दर्शन आनी निर्मीती.
हावेस : सोप्या उतरांनी विज्ञान आनी सैम हांचेकडेन सामान्य लोकांक आकर्शीत करप.

''चिटकुल्या चिंकीचें विशाल विश्व'' ह्या पुस्तकांत मळबांतल्यान पावस कसो पडटा हाचें विज्ञानीक गुपीत फुटलां. जमनीवेलें उदक आटून, ताची वाफ जावन वयर वतना फुडें कुपां कशीं तयार जातात, पावस म्हळ्यार कितें, तो मळबांतल्यान सकयल पडून आमच्या भुंयेक थाकाय कशी दिता हें वाचतल्यांक ह्या पुस्तकांतल्यान कळटलें. हातूंतल्यान मळबांतलो गडगड, जोगलावप हांचे गुपीत ल्हवूच फुट्टा. हें सगळें सैमाचे विज्ञान, चिंकी– एक धाकटुली मूंय आनी ताची मोगाळ आवय हांच्या भोंवर्डेतल्यान, तांच्या संवादातल्यान भुरग्यांमेरेन पावोवपाचो लेखिकेन यत्न केला. चिंकीची सपनां, हेर मुयांपरस वेगळी जीण जियेवपाचो ताचो हावेस, जिणेच्या प्रवासांत खिणाखिणाक येवपी आडमेळीं आनी तांचेर मात करून मुखार वचपाची जिद्द, नव्या विश्वाक फुडो करपाचो दृश्टीकोण ह्या पुस्तकांतल्यान लेखिकेन मांडला.

Rs. 225/-